मिर्गविणो

जयंती नायक

जयंती नायक हिचीं पुस्तकां

कथा

1. गर्जन (दुसरी आवृत्ती प्रकाशीत)
2. अथांग

लोकवेद

1. रथा तुज्यो घुडयो
2. कणेर खुंटी नारी
3. तळय उखल्ली खेळ्यांनी
4. मानांलीं गितां
5. आमोणें - एक लोकजीण
6. पेडणेचो दसरो
7. नागशेराचे सूर
8. लोकबिंब
9. कोंकणी लोककाणयो
   (दुसरी आवृत्ती प्रकाशीत)
10. कलेची बनवड
11. गांवरान
12. राजरत्नां
13. लोकरंग
14. लोकमंथन
15. Venchik Lokkanio

बाल साहित्य

1. सोरपाची करामत
2. वागमामाची फजिती
3. चड शाण्याक फातराचे शीत !
4. नवरंगी फूल
5. भुरग्यांखातीर लोककाणयो
6. सानुल्यांची कवनुलां
7. गोयची लोककला

नाटक

1. कुकमादेवीची दिपमाळ

मिर्गवेणो

जयंती नायक

राजाई प्रकाशन

मिर्गवेणो	MIRGAVENNO
जयंती नायक	Jayanti Naik
© जयंती नायक	© Jayanti Naik
प्रकाशन क्र. 12	Publication No. 12
पयली आवृत्ती : 2010	First Edition: 2010
छापपी : रूतू ऑफसेट, वळवय, फोंडें, गोंय	Printer : Rutu Offset Volvoi, Ponda, Goa.
मुखचित्र : श्रीधर कामत बांबोळकार	Cover : Shridhar Kamat Bambolkar
अक्षर जुळोवणी : ज्योती गांवकार	Typesetting : Jyoti Gaonkar
प्रकाशक : अवधूत आमोणकार, राजाई प्रकाशन, आमोणें, केपें, गोंय-403 705	Publisher : Avadhut Amonkar, Rajaee Prakashan, Amona, Kepem, Goa - 403 705
मोल : रू. 120/-	Price : Rs. 120/-

हे आदिबंध
सृजनाचे...
तिच्या म्हज्या
अलौकीक नात्याचे !

- जयंती

ह्या पुस्तकाक प्रस्तावना बरोवपी -
स. प्रकाशबाब थळी
मुखचित्र काडपी -
श्री. श्रीधर कामत बांबोळकार
टायपसेट करपी -
श्रीमती ज्योती गांवकार
छापणावळ करपी -
रूतू ऑफसेटचे धनी श्री. हिरू नायक
हांचे सगळ्यांचे आमी मनासावन उपकारी

- प्रकाशक

आशयगर्भ शब्द-वेणो

डॉ. जयंती नायक. कोंकणीच्या मळावेलें आयचें एक प्रस्थापीत आनी झगझगतें, परजळटें नखेत्र. ताची आतांमेरेनची साहित्यीक वाटचाल हांव लागींच्यान पळयत आयलां. तें आमचें एक खूब जैतीवंत अष्टताशी अस्तुरी - व्यक्तीमत्व.

कोणेशें एकीकडेन म्हणलां : धडपडीक अंत नासता पूण अर्थ आसता. हांवूय ह्याच मताचो. डॉ. जयंतीक यशस्वी बी म्हणचे सुवातेर हांवें जैतीवंत अशें वयर म्हणलां. कारण ताच्या नांवांतूच जय आसा, जीत आसा. किदेंय केलें जाल्यार अंती जय ताचोच म्हणून तें जयंती.

भोवतेक बरोवपी सुरवातेच्या काळांत कविता बरयतात आनी उपरांत गद्याकडेन वळटात. जयंतीनूय तशेंच केलां आसूं येता. पूण कितल्याश्याच विंगड विंगड साहित्य प्रकारांनी उल्लेखनीय संचार करून योगदान दिले उपरांत आतां ताचो पयलो कविता संग्रह येता. ही लेखिका जंय पावल दवरता थंय थंय आपणाली छाप सोडटा. ताचें पयलेंच नाटक फाटलीं दोन वर्सां गाजता.

ह्या कविता संग्रहांत ताणें एक वेगळो प्रयोग केला. चार चार वळींच्यो एकाच विशयाच्या संदर्भांतल्यो वट्ट 72 आशयगर्भ कविता हांगा प्रसवल्यात. बाळंतवेणांक वेदना म्हणप नासता कारण तातूंत सृजन आसपावता. पूण अकाली सोंपिल्ले आवयचे यादीन एखाद्या रानांत शेणिल्ल्या पाडसान, पाडकान, बाळकान काळीज पिळवटायत हांबेवचें तशे तरेन हे कवियित्रीचें आकुळ-पिकूळ मन हांगा उकतें जालां.

जयंतीचें हें पुस्तक आत्मनिवेदनपर कवितांचें. भुरगेपणांत ताच्या वांट्याक चड बंधनां, धाक, उपदेश आनी सामाजीक बेडयोच आयल्यो हें स्पशटपणान जाणवता. संवेदनशील मनांक असले तरेचें fractured childhood वांट्याक येवपाचें दुर्भाग्य जायत्या जाणांक फावो जाल्लें आसता. पूण ताची कोडसाण वा पिरंगण जयंतीच्या ह्या कवितांनी दिसना. राग आसा तसो मोगूय आसा. देखुनूच भरपूर शीण आसा. आवयचें रीण तें विसरना. ताच्याच उतरांनी तें खुद्द अर्पण पत्रिकेंत पयल्याच पावलाक व्यक्त जालां.

थोडे कवी particular कडल्यान general वा universal कडेन वतात. थोड्यांचो प्रवास हाचे reverse पध्दतीनूय जावं येता. जयंतीन आपणाले आवयविशींचे तळमळे, कळवळे, उमाळे व्यक्तीगत पावंड्यावेल्यान वैश्विक, सैम-भोवंतणच्या पावंड्यार चितरायल्यात, उतरायल्यात. हें म्हाका दिसता ह्या कवितांचें एक व्हडलें वैशिशट्य.

भारतांतल्या एका व्हड फुडाऱ्याचे बाबतींत आयकल्लें, ताचे इत्सेप्रमाण ताच्या निर्वाणा उपरांत ताच्यो अस्थी देशभर सगल्या वाठारांनी शिंवरायल्ल्यो. जयंतीक अशे तरेन आपणाले आवयच्यो अस्थी अजरंवर जावन तिचें अस्तित्व भोंवतणच्या चराचर सैमांत दिसता अशें ह्यो कविता वाचतकीर जाणवता.

सुर्याचो कुकमा तिळो ह्या कवितांनी परपरत ठळकपणान तेजाळटा. जांचें सदांच स्मरण जाता तांकां केन्ना मरण नासता अशें म्हणटात. सुर्य तर अजरंवरच. 'यावश्चंद्र दिवाकरै' हो शब्दप्रयोग खूप प्रचलीत. जयंतीन सुर्याची प्रतिमा ह्या कवितांनी,

आयावपणासयत सोंपिल्ले आवयच्या संदर्भांत खूब बरे आशयघनतेन वापरल्या.

गोंयचो नामनेचो गायक आनी संगीतकार पं. हृदयनाथ मंगेशकार हाणें कवी भवानी श्रीधर पंडीत हाचें एक गीत तन्मतायेन आळयलां : **या फुलांच्या गंधकोशी सांग तूं आहेस का?**.... तातूंत कवी भोवतणच्या सैमांत, परमेश्वराच्या अस्तित्वाचीं विवीध रूपां सोदपाविशीं प्रस्न करीत आसता. जयंती प्रस्न विचारिना वा आवयच्या अस्तित्वाचो सोदूय घेवंक सोदिना. कारण भोवंतणच्या आसमंतात सैमाच्या वेगळ्या वेगळ्या रूपांनी ताका तें नित्य जाणवत आसता. ताका दिसता जावंये, आपणाली आवय दिवंगत जावंकूच ना जाल्यार... फकत ताका स्वताक आनी आमकां ती दिसना इतलेंच. पूण तिच्या अस्तित्वाच्यो कुरवो, खुणो आनी खुमो ताका नित्य उत्कटपणान जाणवत आसतात आनी ताच्या ह्या चारोळ्यांतल्यान वाचप्यांच्याय नदरांमुखार उब्यो जातात.

ह्यो आशयगर्भ वेणो वयलेवयर वाचून कडेक दवरपाच्यो न्हय. त्यो परत परत वाचून खोलायेचो थांग घेत काव्य मंदिराचे गर्भकुडीमेरेन वचून अणभवपाच्यो, मनसोक्त दाद दिवपाच्या गांभीर्यान वाचपाच्यो.

20/08/2008 — **प्रकाश थळी**

कोंकणी राष्ट्रमान्यताय दीस — मयडें, गोंय

1.

म्हज्या वांट्याचें प्रेम
तूं हेरांच्या पोशांत वोतीत रावली,
तरी म्हजी जीण
तुज्या अस्तित्वान भरली !

2.

तूं गेल्यार आतां
कितकीशींच वर्सां जालीं
तुज्यो यादी मात काळजांत
आजुनय जिव्यो तट्टटीत !

3.

ते आमोरेर वाऱ्याची झुळूक
आंगाक स्पर्श करीत गेली,
तुज्या पदरा शेवाच्या उगडासान
काळजांत खोल कळ उदेली !

4.

मध्यान राती अशी
अचकीत जाग येता,
तुजे कुशींत न्हिदिल्ल्याचें
सपन अर्दारच भंगता !

5.

तूं आमकां अर्दारच साणून गेली
ताचो काळजांत खूब राग
पूण मनाक मात दिसपट्टो
तुजोच लागला ध्यास !

6.

तुवें दिल्ल्या आदर्शांनी
हांवें म्हजी जीण घडयली,
आतां ही जिणच म्हजो
आदर्श जाल्या!

7.

तुज्या फोटवांतल्या दोळ्यांक
जेन्ना हांव म्हजी नदर भिडयता,
तेन्ना चैतन्याचें बिजूल
म्हज्या शिरंतरांनी जोगलावता !

8.

भुरगेपणांत दिसतालें
तुवें म्हजेर अन्याय केलो,
आज दिसता, बरें जालें
म्हज्या जिविताचें भांगर जालें!

9.

पयल्या पावसांतलो मातयेचो गंध
जेन्ना आसमंत परमळटा,
तेन्ना काळजांत एक हुरहूर
तूं येतली आतां धरतरेर!

10.

तुवें चिरसमाधी घेतिल्लो जागो
म्हजेखातीर जालां एक पवीत्र थळ
ताच्या पयसुल्ल्या दर्शनान
येता म्हज्या पांखट्यांक बळ!

11.

तुवें घे म्हणलो ना,
तरी हांवें तुजेकडल्यान आत्मविस्वास घेतलो,
त्या आत्मविस्वासाच्या बळग्यार
हांवें संवसार जिखलो!

12.

तुवें म्हाका भरभरून दिली ती
धाक आनी दबकावणी
मोग मात दितना,
तूं खूबच चामटी जाल्ली!

13.

तूं गेली, त्या दिसाच्या जाग्यारच
हांवें म्हजें जिवीत थांबयलां,
तूं परत येतली, म्हजें भुरगेंपण म्हाका परत दितली
अशी काळजांत एक भाबडी आस्त आसा!

14.

तुजेविणा,
जीण अशी अनाथ पोरकी
घरूय आतां सत्व सांडिल्लें,
बाबडें, केविलवाणें!

15.

तुजेकडल्यान शुन्याचें मोल
एक दीस आयकल्लें,
म्हुणूनच आज हांव
शुन्य भेदूंक पावलें!

16.

वाटेवयलो वाटसूर आनी दारांतलो भिकारी
जेन्ना गायतात तुजे गूण,
तेन्ना तुजेविशींच्या अभिमानान
फुलून येता ऊर!

17.

भुरगेपणांत एकदां तुवेंच सांगिल्लें
आकाशदिव्याच्या उजवाडांत खंय,
सर्गार गेल्ले पुर्वज, घरा परततात म्हण,

आतां हांव न चुकतां दिवाळेक
आंगणांत आकाशदिवो पेटयता,
पूण, तूं मात आजून आयलीच ना!

18.

तुजे अपुरबायेविणा
म्हजें भुरगेंपण अर्दकुटेंच उरलें,
आतां म्हाका जाण्टेंच
जावंक येना!

19.

दारांतलो शिगम्यामेळ
जेन्ना आयेक साद घालता,
तेन्ना तूं गेल्ल्याची जाणीव
काळजांत अदिकच तीव्र जाता!

20.

अस्तमतेच्या पारार जाता
आख्खें मळबच तुजें कपल,
आनी सुर्याचो तांबडो गुळो
तुज्या निंदलावेलो कुकमातिळो!

21.

मळबांत दाटल्यांत
पावशी गर्भाळ कुपां,
म्हज्या दोळ्यांत भरल्यांत
तुज्या यादिंचीं दुकां!

22.

घराफुडल्या दोंगराक
जाला श्रावणभार,
तुजेखातीर खुंटिल्ले पत्रेचो
मनांत आजुनय हरवसो वास!

23.

दर्यांत देंवतल्या सुर्याक
दर दिसा एक एक रूप
त्या रूपांत हांव सोदतां
तुजी तेजाळ मुर्त!

24.

सकाळ–सांजवेळा सुर्या नियाळपाचो
हालीं म्हाका छंदूच लागला,
कारण त्या सुर्यांत आतां
म्हाका तुजें रूप दिसलां!

25.

तुज्या पातळांच्यो घडयो
ट्रकांत जाल्यात बंदिस्त
तुज्या वात्सल्याच्या पदराक
घर आशेलां!

26.

तूं गेली....
भल्लेलो गोठो जालो रितो,
गोरवांनी तोडलीं दावणीं
पाडकां पावलीं जळीं-मळीं

27.

म्हजें यश,
हें खरें म्हजें न्हयच,
तें तर तुवेंच दिल्ल्या
म्हत्वकांक्षेचें फळ!

28.

मळबांत झोपय घेतना
मन वोडटां फाटीं,
पांयांपोदचे मातयेंत
पुरवल्ल्यो आसात तुज्यो यादी!

29.

तुजो अचेतन देह आसलो मुखार
तरी म्हजें मन शांत शांत,
तूं येतली परतून धरतरेर
मनांत म्हज्या दृढ विश्वास!

30.

सगळ्यांनी म्हळें
तूं आयली!
त्या कंवळ्या मुखामळार
म्हाका तुजी कुरू गावली!

31.

तूं हे धर्तरेवेलें
कलेवर सोडून गेली,
तरी तुज्या कर्तृत्वाचें तेज
पातळ्ळां चारूय दिकांनी!

32.

तुजें व्यक्तीमत्व
भारदस्त आनी प्रभावी
तुज्यालागीं वतना
काळीज बिलू जायी!

33.

माया आनी शक्ती
तुज्यांत दोनय रूपां समाविल्लीं
तुज्या कुसव्यांतल्यान आकारिल्ली जीण म्हजी
देखूनच अशी पर्जळीत जाली!

34.

माथ्यावेली तुजी सांवळी
ज्या दिसा सासणाची शेणली
त्या दिसाच्यान भर पावसांतय
जीण म्हजी तळपेवंक लागली!

35.

मनशांच्या म्हासागरांत
हांव मदेकाक उबें
तरी तुजेवीण अशें
एकटें, एकसुरें!

36.

‘असल्यांनी तूं सर्गाक हात लायतलें!’
तुवें एक दीस तिडकून म्हणिल्लें....
आज सगळो सर्गूच म्हज्या हातांत आयला
पूण तो पळोवंक मात तूं ना!

37.

आज उत्तूंग खोशयेचो दीस
भांगराळी जाली म्हजी जीण,
हे खोशयेकय पडल्या एक चील
तूं ह्या संवसारांत ना!

38.

तुजी अदृश्य सया
दिता म्हाका सांगात,
उमाशेच्या ह्या
किट्ट काळखांत!

39.

ज्या दिसा मातयेंत
तुज्यो अस्ती विलीन जाल्यो,
त्या दिसाच्यान
माती म्हजी आवय जाली!

40.

तुजें अस्तित्व अशें
अख्ख्या चराचरांत भरलां,
लवलवतल्या तरव्यांत आनी खळखळट्या
वझऱ्यांत
म्हाका तुजें रूप गावलां!

41.

तुजो देह मातयेक
अर्पण जालो आनी...,
मातयेक पांय लावंक
म्हजो जीव कांचवेलो!

42.

सभोवंतणी पातळिल्ले मातयेक
ओलावो तुज्या स्पर्शाचो,
आनी कणाकणाक सृजनगंध
ह्या संवसाराक निर्मुवपाचो!

43.

तूं ना म्हण, दारांतलीं सुकणीं
गेलीं उडून दिगंतरा,
शेतांतल्या पोसवांनीय
फिरयली फाट घरा!

44.

तूं नासली फकत आमचीच आय,
तूं तर सगळ्या संवसाराचीच माय,
तूं ना म्हण फुलची थांबल्या,
पोरसांतलीय जाय!

45.

पावस येता, गीम येता...
वसंत येता, शिशीर येता...
तुजे सांवळेंतल्या दिसांची
याद काडीत हांव जियेतां!

46.

निर्शेल्ल्या मनामुखार म्हज्या
अचकीत रावता उबी तुजी मूर्त,
मागीर उचंबळून येता शिरंतरांनी
जगपाची एक नवी स्फूर्त!

47.

तुजे हावेस मळब
तूं एकदीस मळबच जाली,
मळबापोंदची जीण म्हजी
तुजे सांवळेक आशेली!

48.

पडट्या पावसांत उठून
तूं निमणे यात्रेक गेली,
तेन्नासावन पावस
म्हजें काळीज रडयता!

49.

झांकळिल्ल्या मळबाक
तुज्या दोळ्यांची खोलाय,
ते खोलायेंतल्यान पाझरता
तुजे मायेची पावसधार!

50.

तुज्या स्पर्शाची आर्त वोड
काळजांत जेन्ना किल्लता, तेन्ना
तुज्या कुसव्यांतल्यान जल्म घेतिल्लें हांव
तुजो आभास सर्वांगांत रूजयतां!

51.

त्या तांबड्या सुर्याचें
म्हाका उपाट पिशें,
कारण ताचेमदीं लिपलां
तुजें मुमुरकें हांशें!

52.

दिसभर पाठलाग करपी तो अग्नीसुर्या
सांजेपारार रूप घेता तुज्या भेदक दोळ्यांचें,
मागीर स्वांगाक सुट्टा थरथरो आनी मनांत कंप
भुरगेपणांत तुवें दिल्ल्या धाकाचो!

53.

तुवें आस्थेन जमयिल्लो गोतावळो
तुज्या निमण्या वर्सांनी शेणून गेलो,
म्हजे कुडीची वार मात
तुज्या कुसव्याक घट दसून उरली!

54.

तुजो तो निमणो स्पर्श
जतन केलां हांवें म्हजे मुठींत,
तुज्या वोंठांवेलीं निमणीं उतरां
सांबाळ्यांत हांवें काळजा व्होटणींत!

55.

तूं मरणाकडेन झूज दितना
हांव तुज्या सांगाताक आसलें,
तुज्या देहाची तडफड पळयतना
हांव खिणा खिणाक मरतालें!

56.

तुज्या मोगाक आंवडेतां आंवडेतां
म्हज्या सर्वांगाक मोगाच्यो कोमऱ्यो फुटल्यो
आतां म्हजो पुर्ण देहच म्हटल्यार
एक सहस्त्रपानी वटवृक्ष जाला!

57.

सांजेपारार तुळशीपेडी नियाळटाना
तीव्र जातात यादी तुवें पेटयिल्ल्या निरांजनाच्यो.
आनी कानाक जाता आभास
घरांत वावुरतले तुजे आयाव पावलटीचो!

58.

तुज्या स्मृतींनी पांयांक दिलें बळगें
आनी कुडीक धिटाय,
तूं नासतना संवसारांत
आतां जगूंक शिकलां हांव!

59.

तुज्या पोटांतल्यान जल्म घेतल्यार
आतां जायतींच वर्सां जालीं,
तरी म्हज्या मनाची वार
आजुनय तुज्या कुसव्याक जोडिल्ली!

60.

तुज्या वारीचें नातें
हें शाश्वत चिरंतन,
युगां युगां सरलीं
तरी ना ताका अंत!

61.

सकाळीं, दनपरां, सांजवेळां
तो सुर्या म्हज्या घराकडेन,
जशी तूंच तो तेज गुळो जावन
राखता तुजे मठयेक!

62.

संवसाराच्या म्हासागरांत
म्हजे जिणेचें तारूं,
तुज्या मायेच्या व्हल्ल्याविणा
बुचकळ्यो खाता!

63.

तुज्या यादिंच्या वेणांनी
म्हजो मनकुसवो निन्नळटा,
मागीर एका फांतोड खिणाक
उतरांर उतरां प्रसवता!

64.

तुज्या कांकणाचो किणकीण
आनी गोठ्यांतल्या पाडकांचो हाम्मा,
कानार पडल्यार जालीं
आतां कितकीं तरी तपां!

65.

वाटेवयली म्हातारी
अचकीत घेता तुजें रूप,
आनी तिच्या सुरकुतिल्ल्या स्पर्शान
भोगता हांव मायसूख!

66.

धर्तरिचे हे व्होटयेंत जियेतना
अणभवता उब तुज्या स्पर्शाची,
आनी अनंतांतली तूं जावन चेतन
दिता उशी म्हाका तुजे मांडयेची!

67.

घराफाटले ओंवळीक
जाला जुवान भार,
तुज्या माथ्याबगर फुलां
करपून गेलीं झाडार!

68.

तूं म्हज्यांत समावल्या
काय हांव तुज्यांत?
म्हजेखातीर एक गहन प्रश्न
जाप नाशिल्लो, अनुत्तरीत!

69.

तुज्या गर्भकुसव्याची जागयता याद
हो ब्रह्मांड कुसवो,
मागीर तळमळटा मन
जावंक अंश परत तुजे कुडिचो!

70.

तूं अशी सर्वव्यापी
ही धर्तरी तुवें पुराय व्यापल्या,
ह्या सृश्टीच्या कणा-कणांत
तुजें आवयपण समावलां!

71.

भुरग्याक हांड्डिर घेतिल्ली दर एक माय
आतां म्हाका दिसूंक लागल्या तूंच,
म्हुणून तिच्या हांडिवेल्या भुरग्यांत
हांव सोदतां म्हजें बाळरूप!

72.

कुडिचीं शिरंतरां कातरीत वचपी
ही जल्मवेण...
ही म्हणजे दुसरी कोण न्ही,
साक्षात तूंच!

राजाई प्रकाशनाची पुस्तकां

1. चड शाण्याक फातरांचें शीत!
   जयंती नायक
2. अथांग
   जयंती नायक
3. सानुल्याची कवनुलां
   जयंती नायक
4. गोंयची लोककला
   जयंती नायक
5. जयंतीची कथा:
   आस्वाद आनी समिक्षा
   सं. अवधूत आमोणकार
6. मनसांज
   चंद्रकांत नायक
7. लोकरंग
   जयंती नायक
8. लोकमंथन
   जयंती नायक
9. गर्जन (दु. आवृत्ती)
   जयंती नायक
10. कुकमादेवीची दिपमाळ
    जयंती नायक
11. मृगजळ
    माया अनिल खरंगटे

कुडिचीं शिरंतरां कातरीत वचपी
ही जल्मवेण.....
ही म्हणजे दुसरी कोण न्ही,
साक्षात तूंच !

- जयंती

राजाई प्रकाशन